निर्मला सीतारमण- ७०

अनुसुचीत जाती (एससी), अनुसुचीत जमाती (एसटी), आनी देशभरांतल्या बायलांक चड फायदो दिवपा खातीर सरकार 'स्टँड-अप इंडिया' येवजणेची नवी आवृत्ती सुरू करपाचें आसा. आयज लोकसभेंत 'प्रस्न तास' वेळार पूरक प्रस्नांक जाप दितना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सांगलें की,

'स्टँड-अप इंडिया' येवजण-मुळांत एप्रिल 2016 वर्सा सुरू जाल्ली-फाटल्या वर्सा मार्चांत सोंपल्या. नीती आयोग आनी हेर खात्यांनी हे येवजणेचो अभ्यास केला, आनी सध्या ताची पुनर्रचना करून लावाथ्र्यांक वाडिल्ले फायदे पावोवपाचें काम सुरू आसा.

सुरेश गोपी - ३५

झुंजेच्या काळांत उर्जेचें संकट नेटान वाडूंक शकता अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू राज्यमंत्री सुरेश गोपी हांणी नदरेक हाडून दिलें; पूण अशी परिस्थिती निर्माण जावची न्हय हे खातीर भारतीय प्रशासन सक्रीयपणान वावुरता अशेंय आश्वासन तांणी दिलें.

जे.पी. नड्डा- 129

राज्यसभेंतल्या सभाघराचे फुडारी जे.पी. नड्डा हाणी संकटाच्या काळांत देशांत राजकारण करपाची संद भारतीय नॅशनल काँग्रेस आनी विरोधी पक्ष केन्नाच वगडायना असो आरोप केला.  आंतरराष्ट्रीय परिस्थितीक लागून संकट निर्माण जालां अशी म्हायती तांणी सभा घराक दिली. ह्या संकटाक  जाप दिवपाक सरकारान सविस्तर चर्चा केल्या आनी परिस्थिती स्पश्टपणान सांगल्या, पूण विरोधी पक्ष ते आयकुपाक तयार नात अशें श्री नड्डा हांणी सांगलें.

हाचे पायली ‘शून्य वरा’ वेळार विरोधी पक्षाचे फुडारी मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी सभाघरांत एलपीजीचो प्रस्न मांडलो आनी सरकारान हें संकट सोडोवपा खातीर गरजेचीं पावलां उबारूंक नाशिल्ल्याची टिका केली. ह्या संकटाक लागून देशभरांत भंय निर्माण जाला, आनी एलपीजीचो उणाव समाजांतल्या गरीब आनी मध्यमवर्गीय वर्गांचेर वायट परिणाम करता अशें खरगे हांणी सांगलें.

एलपीजी आयात करपाक आडमेळीं येवंक शकतात हाची सरकाराक पयलींच खबर अशिल्ली जाल्यार आदींच पर्यायी वेवस्था कित्याक जाली ना असो आरोप तांणी केलो.

कतार एअरवेज- ७१

कतार एअरवेज ह्या कंपनीन ह्या म्हयन्याच्या 18 ते 28 ह्या काळांत विमान येरादारीचें सुदारीत आनी मर्यादीत वेळापत्रक चलयतले अशें जाहीर केलां. दिल्ली, अहमदाबाद, अमृतसर, बेंगळुरू, चेन्नई, हैदराबाद, कोच्ची, कोळीकोड, मुंबय ह्या सारक्या वेगवेगळ्या शारांनी ही विमान कंपनी विमान सेवा दितली अशें कतारांतल्या भारतीय दूतावासान सांगलां. मजगतीं, प्रवाशांनी आपल्या अधिकृत संकेतथळार वा मोबायल ॲप्लिकेशनाचेर अद्ययावत विमान वेळापत्रक तपासपाचो सल्लो विमान कंपनीन दिला, आनी तांचे संपर्क तपशील अचूकपणान अद्ययावत केल्यात हाची खात्री करची.

अनुराग ठाकुर- 86

अस्तंत बंगालांत भाजपा सरकार सत्तेर येतलें असो विस्वास भाजपा खासदार अनुराग ठाकुर हांणी उक्तायलो. संसदे भायर पत्रकारां कडेन उलयतना तांणी भाजपा

परतून आसामांत सत्तेर येतली आनी पुडुचेरींत एनडीए सरकार तयार जातलें अशें सांगलें. अस्तंत बंगालांतल्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांक वेंचणूक आयोगान आपल्या पदा वयल्यान काडून उडोवपाच्या प्रस्नाचेर मार्गदर्शन करतना ठाकुर हांणी म्हटलें की वेंचणूक चालू आसतना खंयच्याय अधिकाऱ्याक तांच्या पदा वयल्यान काडून उडोवपाचो अधिकार वेंचणूक आयोगाक आसा. अशी घडणूक घडपाचो हो पयलोच प्रसंग न्हय अशें तांणी स्पश्ट केलें आनी अशोच घडणुको आदल्या काळांत जायत्या प्रसंगांचेर घडल्यात अशे सांगलें.

टपाल खातें- 69

टपाल खातें फाल्या १७ मार्च २०२६ सावन २४ स्पीड पोस्ट सेवा केंद्रां सुरु करताले. या सेवेचे उक्तावण दूरसंचार राज्यमंत्री डॉ. चंद्रशेखर पेम्मासामी हांच्या हस्तुकीं दनपरा १२:३० वारांचेर जातालें. या कार्यावळीक नवी दिल्लीच्या आकाशवाणी भावनांतल्या रंगभवन सभाघरांत खात्याचे वरिष्ठ अधिकारी हाजोर अस्तले. हे सेवे वरवीं, तात्काळ आनी संवेदनशील टपाल वस्तू वेळार, फुडल्या दिसा पावोवपाची हमी दिल्या. सुरवातीच्या टप्प्यांत ही सेवा दिल्ली, मुंबय, चेन्नई, कोलकाता, बेंगळुरू, आनी हैदराबाद हांगा उपलब्ध आसतली.

बॅडमिंटन-44

बॅडमिंटनांत फाल्यां फ्रांसांत सुरू जावपी ‘ऑर्लियन्स मास्टर्स सुपर 300’ सर्तींत वरिश्ठ खेळगडो किदम्बी श्रीकांत, तरणाटे खेळगडे आयुष शेट्टी आनी तन्वी शर्मा भारताच्या आव्हान पेलतलें . तशेच भारताचो  वरिश्ठ शटलर एच.एस. प्रणॉय फाटल्या सप्तकांत बासेलांत जाल्ल्या ‘स्विस ओपन’ सर्तींत खांद्याक दुखापत जाल्ल्यान सर्तींतल्यान भायर सरला.